**प्रधानमंत्री रोजगार निर्माण कार्यक्रमाचेर वेबीनार**

ता. 26 ऑगस्ट 2021

गोंयांतल्या युवकांमदी उद्देजकताय कुशळटाय वाडोवपाच्या उद्देशान मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत शुक्रार ता. 27 ऑगस्ट 2021 दिसा सांजेच्या 6.00 वरांचेर प्रधानमंत्री रोजगार निर्माण कार्यक्रमाच्या जागृतायेवयल्या वेबीनारावरवी मार्गदर्शन करतले. वेबीनार यु ट्युब आनी फेसबुकार लायव्ह आसतलो. YouTube- @Dr Pramod Sawant आनी Facebook- @CMO Goa चेर वेबीनार आसतलो.

प्रधानमंत्री रोजगार निर्माण कार्यक्रम ही MSME मंत्रालयाची म्हत्वकांक्षी येवजण आसून ह्या येवजणेची खादी आनी ग्राम उद्देग आयोगा मार्फत देशभर अंमलबजावणी करपात येता. ही एक क्रेडीट लिंक्ड अनुदान येवजण आसून ह्या येवजणेखाला वैयक्तिक मनीस आनी आप मजत गट कसलोय उत्पादन निर्माण वा सेवा वेवसाय सुरू करपा खातीर बँकेकडल्यान रीण घेवपाक शकता. पात्रतायेप्रमाण प्रकल्पाक 15 ते 35 टक्क्यामेरेन अनुदानाचो पालव मेळटा.

गोंयांत उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालय डीआयसी, खादी आनी ग्राम उद्देग आयोग आनी खादी आनी ग्राम उद्देग मंडळा मार्फत ह्या येवजणेची अंमलबजावणी करता. ह्या यंत्रणांचे प्रतिनिधी लोकांक येवजणेखातीर पात्रताय, लाव आनी अर्ज करपाविशीं मार्गदर्शन करतले. तशेंच एसबीआय चे प्रतिनिधी प्रकल्पाचो अहवाल तयार करपाक मार्गदर्शन करतले.

उत्पादन निर्माण वा सेवा वेवसाय करपाक सोदपी आनी त्याखातीर आर्थिक भांडवलाची गरज आशिल्ल्या प्रत्येकाखातीर हो वेबीनार फायदेशीर आसा.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/729

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji